# डॉ. आंबेडकर राष्ट्रीय पुरस्कारा खातीर नामांकनां मागयल्या

ता. 23 मार्च 2022

डॉ. आंबेडकर फाऊंडेशन, ह्या केंद्रीय सामाजिक न्याय आनी सशक्तिकरण मंत्रालयाच्या सामाजिक न्याय आनी सशक्तिकरण विभागाखालच्या स्वायत्त संघटनेन "डॉ. आंबेडकर राष्ट्रीय पुरस्कार 2022" खातीर नामांकनां मागयल्यात. समाजातल्या दुबळयां घटकांमदीं सामाजिक समजीकाय वाडिक लावपाक आनी विकासाखातीर उत्कृश्ट योगदान दिल्ल्या बायल, दादलो आनी संस्था/संघटनांक हो पुरस्कार दितात. हे पुरस्कांर राष्ट्रपती हस्तुकीं भेटोवपात येतले. रोख 10 लाख रूपया आनी प्रशस्तीपत्र अशें पुरस्काराचे स्वरूप आसा.

ह्या पुरस्कारांखातीर नामांकनां भरपाची निमाणी तारीख 27 मार्च 2022 आसा. इत्सूक व्यक्तिं/संस्थांनी चड म्हायती खातीर डॉ. आंबेडकर फाऊंडेशनाची वेबसायट http://daic.gov.in/ **वा** https://socialjustice.nic.in/ **ह्या वेबसायटीचेर भेट दिवची वा** समाज कल्याण संचालनालय, फोन नंबर 0832-2232257 चेर कामाच्या वेळेंत संपर्क करचो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/193

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji